Panaji regional news

19 July 2025,7.20pm

## उत्तर गोंयचे खासदार

केंद्रिय अक्षय उर्जा राज्य मंत्री तशेंच उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक हांणी खासदार निदीतल्यान आयज 3 दिव्यागं व्यक्तींक तीन चाकी मोटरसायकली दिल्यो.तशेंच साखळे आमोणेच्या विठ्ठल रखुमाई मंदिराक स्पीकर सेट दिल्या.खासदार निदीतल्यान आजवेर 12 दिव्यांग व्यक्तींक अशा पध्दतीच्यो तीन चाकी मोटरसायकली दिल्यात. हे शिवाय सोलर स्ट्रीट लायट,तीन शाळांक बस, हे शिवाय कांय पंचायतीनी कोयरा एकठाय करपाक गाडी दिवची अशी मागणी केल्या, ही मागणी विचाराधीन आसा, हे शिवाय शाळांक झेरोक्स मशिन खासदार निदीतल्यान दिल्या. हे शिवाय मसुंड भुंय, कम्युनिटी हॉल, बांधपाचे काम सुरु जाला. आपल्या ह्या कारृकीर्दीत कमीत कमी 50 तरी कामा खासदार निदीतल्यान करपाची मोख आपणे दवरला अशी म्हायती ह्यावेळार श्रीपाद नायक हांणी दिल्या.

## गोंयांत 54.55 लाख पर्यटक

गर्मीच्या दिसांनी लेगीत गोंयांक भेट दिवपी पर्यटकांचो आंकडो वाडला. फाटल्या 6 म्हयन्यांत 54 लाखां परस चड पर्यटकांनी गोंयांत भेट दिली, अशी माहिती पर्यटन संचालक केदार नाईक हाणी दिली.

अंदूं जानेवारी ते जून मजगतीं गोंयांत वट्ट 54.55 लाख पर्यटकांनी भेट दिली. तातूंत 51.84 लाख देशी तर 2.71 लाख विदेशी पर्यटक आशिल्ले. जानेवारी

म्हयन्यांत पर्यटकांची सगळयांत चड गर्दी जाल्ली. ह्या वेळार 10.56 लाख पर्यटकांनी भेट दिली. तातूंत 9.86 लाख देशी आनी सुमार 70 हजार विदेशी पर्यटक आशिल्ले.

ताचे उपरांत फेब्रुवारींत 9.05 लाख पर्यटकांनी गोंयांक भेट दिली. तातूंत ८.४४ लाख देशी तर 61,000 वयर विदेशी पर्यटक आशिल्ले. मार्चांत 8.89 लाख पर्यटकांनी गोंयांक भेट दिली. तातूंत 8.32 लाख देशी तर 56,000 वयर विदेशी पर्यटक आशिल्ले.

एप्रीलांत 8.42 लाख पर्यटकांनी गोंयांक भेट दिली. तातूंत 8.14 लाख देशी तर 28,000 विदेशी पर्यटक आशिल्ले. जाल्यार मे म्हयन्यांत 9.27 लाख पर्यटक गोंयांत आयलें. तातूंत 8.97 लाख देशी तर सुमार 30,000 विदेशी पर्यटक आशिल्ले. जूनांत वट्ट 8.34 लाख पर्यटक आयलें. तातूंत 8.08 लाख देशी तर 25,000 विदेशी पर्यटक आशिल्ले. देशी आनी संवसारीक पांवड्यार प्रचार मोहीम चड खर केल्या. गोंयची वळख फकत दर्यादेग न्हय तर दायज ते आध्यात्मिक आनी वेलनेस रिट्रीट्स मेरेन विंगड विंगड अणभव दिवपी थळ म्हणून घटमूट केल्या, अशे पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी सांगलें

## काजूची लागवड

मडगांव: पर्यावरण संवर्धन आनी थळाव्या लोकांक अार्थीक येणावळ अशे दोन हेतू नदरेमुखार दवरुन गोंय रान उदरगत म्हामंडळान दक्षिण गोंयच्या साश्टींत काजूची लागवड व्हड प्रमाणांत हातांत घेतल्या. या माेहिमेची सुरुवात आयज वेळळेच्या बाराडी ह्या गावांतल्यान सुरुवात जाली. ह्या मोहिमेसकल ह्या गावात सुमार एक हजार काजू रोपांची लागवड केल्या. साश्टींतल्या वेळ्ळी सयत करमणे, चिचोणे, बेतालभाटी, वार्का, केळशी आनी माजोड्डे ह्या सात गांवांनी अशी लागवड करतले अशी म्हायती म्हामंडळाचे व्यवस्थापकीय संचालक नंदकुमार परब हांणी दिली.

आयच्या उक्तावणाच्या सुवाळयाक वेऴीच्या े सरपंच लुडविना फर्नांडिस, रान उदरगत म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक नंदकुमार परब, थळावे फादर डोयल डायस, विल्डा तिंबलो, आरएफओ अभिषेक नायक आनी बिपिन फळदेसाय हाजीर आशिल्ले.

ही मोहीम गोंय रान उदरगत म्हामंडळाच्यो अध्यक्ष आनी पर्येच्यो आमदार डॉ. देविया राणे हांच्या मार्गदर्शनाखाला हातात घेतिल्ली आसून फुडल्या धा दिसांत साश्टींतल्या हेर स पंचायत वाठारांनी ही मोहीम चालीक लायतले अशी म्हायती परब हांणी दिली. थळावे सरपंच आनी पंचाकडल्यान हे मोहिमेक बरो प्रतिसाद मेळटा. गावच्या लोकांनी ह्या मोहिमेक आदार दिवचो असो उला े परब हांणी मारलो.

## गोंय हस्तकला

गोंय हस्तकला म्हामंडळ हांणी पणजेच्या पुलीस मुख्यालयाच्या समोर आशिल्ल्या तांच्या अपरांन्त मांण्ड एम्पोरियमांत, कोकोनट शेल इको-फ्रेंडली राखी' म्हणल्यारूच नाल्लाच्या कट्टेपासुन तशेच नाल्लाच्या हेर भागिपासत तयार केल्ल्यो राखी विकपाची घोशणा केल्या.'कोकोनट शेल इको-फ्रेंडली राखी' वरवी थळाव्या कारागिरांक विक्री आऊटलेट दिवन गोंयच्या पारंपारीक हस्तकलेचो प्रचार करून ही हस्तकला तिगोवन दवरपाच्या हेतान ह्यो राखयो हस्तकला म्हामंडळान विकपाक हाडपाचो निर्णय घेतल्या.ह्यो राखयो 21 जुलय सावन विकपाखातीर उपलब्ध आसतल्यो.. तशेंच डायमंण्ड,मोती तशेंच हैर सजिवटीच्या सामानापासुन तयार केल्ल्यो राखयोय ह्या वेळार विकतले.पर्यावरणपुरक तशंच पारंपारीक हस्तकलेची जतनुक करच्या हेतान गोंय हस्तकला म्हामंडळान हो तुस्त करपासारखो उपक्रम चालीक लायला.

## गोंय राज्य चित्रपट

14-17 ऑगस्ट ह्या काळात पणजे जावपी गोंय राज्य चित्रपट महोत्सवाच्या फांटभुयेरं गोंय मनरिजवण संस्थेन 48 वराभितर लघुपट तयार करपाची आगळी वेगळी सर्त ह्या महोत्सवात आयोजित केला. 2 ऑगस्टाक सकाळी 10 वराचेंर लघुपटाखातीर गोंय मनरिजवण संस्था कार्यालायत विशय दितले, जाल्यार हो ळगुपट 4 ऑगस्टाक सकाळी 10 मेरेन लघुपट निर्मात्यान गोंय मनरिजवण संस्थेकडे दिवचो पडटलो. ह्या सर्तीत वाटो घेवपाक इत्सुक आशिल्लयाखातीर अर्ज करपाची मुजत आयच्यान सुरु जाता जाल्यार 25 जुलैयाक ही मुजत सोपता अशी म्हायती गोंय मनरिजवण स्सथेची उपाध्यक्षा डिलायला लोबो हिणे पणजे घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिला.

ह्या सर्तीत जैतिवंत जाल्या पय्ल्या आनी दुसरे थारील्लया सिनेमांक 25 हजार रुपया इतके इनाम फावो जातले.हे शिवाय उत्कृस्ठ दिग्दर्शक 15 हजार, बेस्ट सिनेमेटोग्राफराक 15 हजार, बेस्ट एडीटर 15 हजार, बेस्ट भिनेता 15 हजार तशेचं बेस्ट भिनेत्रीक 15 हजार रुपया ह्याप्रमाण इनाम दितले अशी म्हायती ह्यावेळार डिलायला लोबो हिणे दिल्या.

## ‘विद्यार्थी स्वयंसेवक’

उच्च माध्यमीक वा म्हाविद्यालय पांवड्यार ‘विद्यार्थी स्वयंसेवक’ म्हूण राष्ट्रीय सेवा येवजणेंत बरी कामगिरी केल्ल्या आनी आतां सरकारी वा हेर क्षेत्रांत उंचेल्या पदांचेर काम करपी नागरिकांविशीं म्हायती एकठांय करपाचो वावर सुरू जाला. राष्ट्रीय सेवा येवजण खात्याच्या महाराष्ट्र आनी गोंय विभागीय संचालकांनी ही म्हायती दिल्या. उच्च माध्यमीक वा कॉलेजीच्या पांवड्यार राष्ट्रीय सेवा येवजणेचो स्वयंसेवक म्हणून काम करतना फकत देशाची सेवा करपाक प्रेरीत आशिल्ले विद्यार्थीच मुखार वतात आनी उपरांत आपल्या नोकरेत वा वेवसायांत

प्रामाणीकपणान काम करतात आनी थंयच राष्ट्र सेवा येता. अशा राष्ट्रीय सेवा येवजणेच्या स्वयंसेवकांची देशभरांतली म्हायती एकठांय करपाचें काम हातांत घेतलां अशें तांणी सांगलां. गोंय राज्यातल्या म्हाविद्यालयांचे प्राचार्य आनी उच्च माध्यमिक विद्यालयाच्या प्राचार्यांनी राज्यातल्या राष्ट्रीय सेवा येवजणेच्या माजी स्वयंसेवकांची म्हायती प्रादेशिक संचालकांक धाडची अशें ह्या विशिंच्या खबरेंत म्हळां.

## बुद्धिबळात

बुद्धिबळात, ग्रँडमास्टर्स कोनेरू हम्पी, डी हरिका आणि आर वैशाली आणि आंतरराष्ट्रीय मास्टर दिव्या देशमुख हाणी FIDE वर्ल्ड वुमेन्स कपच्या क्वार्टरफायनलीत प्रवेश केलो जाका लागुन भारत हो स्पर्धेच्या अंतिम-आठ टप्प्यात चार खेळाडू आशिल्लो पयलो देश जाला. या चारय बायलांनी काल त्यांचे टायब्रेक खेळ जिंकून जॉर्जियातल्या बटुमी हांगा अंतिम-आठ टप्प्यात प्रवेश केला